**<u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं</u>**

ता. 30 डिसेंबर 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, " नव्या वर्साच्या खुशालकायेच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी काळजासावन परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

नवें वर्स हे खुशालकायेचो प्रसंग जावन आसा. ह्या प्रसंगार आमी आमचें विचार ताजें करतात आनी नव्या कामाखातीर तयार जातात. आमचें विचार ताजें करपाची आनी आमच्या जीणेत सुदारणा करपाक नव्यान निश्चय करपाची ही वेळ आसा. नवें वर्स नवें हावेस, अपेक्षा घेवन येता आनी आमची जीण तरतरीत करता.

मतभेद पयस करपाक, एकामेकाक माफ करपाक, मोग वाडोवपाक आनी समाजातल्या भावां-भयणांमदीं इश्टागत वाडोवपाक ही योग्य वेळ आशिल्ल्यान ह्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक एकजूटीन रावन आमच्या राज्याचो सलोखो आनी सामाजीक अखंडताय राखून दवरपाचो उलो मारता. गोंय हे सदाच शांतीकाय, सलोखो आनी सहिष्णूतायेचे प्रतिक जावन आसा आनी हे दायज सांबाळून दवरप आनी समृध्द करप आनी एकामेकाच्या सुख-दुख्खात वाटो घेवप हे आमचे कर्तव्य जावन आसा.

हे नवें वर्स आमच्यामदीं एकजूट आनी आपलेपणाची भावना जागोव आनी शांतीकाय आनी सलोखो वाडोव, " अशें राज्यपाल फुडें म्हणटा.

. म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/972

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.